**सहकार हो मनशाचो सभावीक गुण -सहकार मंत्री**

28 सप्टेंबर 2024

सहकार हो मनशाचो सभावीक गुण जावन आसा. सहकारा बगर मनशाचो विकास वा कल्याण शक्य ना. आमी एकटाय रावन एकामेकाक मजत करपाक जाय आनी समाजामदी सहकाराची भावना वाडोवपाक जाय, अशें सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी सांगलें.

श्री. शिरोडकर काल पोरणे गोंय हांगा गोंय राज्य सहकारी बँकेन आयोजीत केल्ल्या राज्य सहकारी बँक राष्ट्रीय महासंघाच्या वर्सुकीं बसकेत उलयताले.

फुडें उलयतना शिरोडकर हांणी सांगलें, देशांतल्या कांय राज्यांनी सहकार क्षेत्रांत उत्कृश्ट प्रगती केल्ली आसली तरी सहकार चळवळ सगळ्या घटकांमेरेन पावोवपा खातीर आमी काम करपाक जाय. देशाच्या अर्थवेवस्थेत सहकार क्षेत्राचे भरपूर योगदान आसा. सहकारातल्यान ग्रामीण लोकांची प्रगती जावपाक मजत जाल्या. सहकार क्षेत्र हे जगाखातीर आदर्श क्षेत्र करपा खातीर आमी प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

कर्नाटक सरकारचे सहकार मंत्री श्री. के. एन. राजन्न हांणी सहकार क्षेत्रावरवीं शेतकरी वर्गाक अर्थीक तशेंच हेर सुविधा दिवन तांचे सशक्तिकरण करपाची गरज आसा, जो आमच्या अर्थवेवस्थेचो कणो जावन आसा, अशें सांगलें.

राज्य सहकारी बँक राष्ट्रीय महासंघाचे अध्यक्ष . कोंडुरा रविंद्र राव हांणी सहकार क्षेत्राचो उद्देश पुर्ण करपा खातीर सहकार क्षेत्रातल्या सगळ्या वावूरप्यांनी एकामेकाच्या सहकार्यान काम करपाची गरज व्यक्त करून महासंघाची वर्सुकीं बसका गोंयांत आयोजीत करपाक सहकार्य केल्ले खातीर गोंय राज्य सहकारी बँकेचे अध्यक्ष श्री. उल्हास फळदेसाय हांचे अभिनंदन केले.

आदले खासदार श्री. चंद्रपाल सिंग हांणी ग्रामीण अर्थवेवस्था मजबूत करपा खातीर सहकार क्षेत्राचे योगदान म्हत्वाचें आशिल्ल्याचें सांगून आमच्या देशांत बँकिंग क्षेत्र उत्कृश्ट प्रगती करता, अशें सांगलें.

महासंघाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. भिमा सुब्रमण्यम हांणी प्रास्ताविक केले.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तुकीं चंद्रपाल सिंग, उल्हास फळदेसाय, अनंत चोडणकर, सुधीर महाजन आनी हेरांचो सत्कार जालो.

सुरवातीक उल्हास फळदेसाय हांणी येवकाराचे उलवप केले. श्रीमती सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा/सप/ / विगां/ 2024/ 524

-- 
------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.